**प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कारा खातीर नामांकनां मागयल्यात**

ता. 10 ऑगस्ट 2023

केंद्रीय बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयान प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कारा खातीर अर्ज/नामांकनां मागयल्यात. हेरां खातीर निस्वार्थ धाडसाचे काम केल्ल्या आनी खेळ, समाज सेवा, विज्ञान आनी तंत्रज्ञान, पर्यावरण, कला आनी संस्कृती आनी इनोव्हेशन क्षेत्रांत उत्कृश्ट प्रगती/गुणवत्ता प्राप्त करून समाजाखातीर आदर्श थारिल्ल्या भुग्यांची दखल घेवप ह्या उद्देशान हे पुरस्कांर दितात.

अर्ज https://awards.gov.in ह्या ऑनलायन पोर्टलाचेर सुपूर्द करपाक जाय. अर्ज स्विकारपाची निमाणी तारीख 31 ऑगस्ट 2023 आसा.

प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कारा खातीर भुरगे भारतीय नागरीक आनी देशांत राबीतो करपी आसपाक जाय. तशेंच अर्ज/नामांकन स्विकारपाच्या निमण्या तारखेक भुरग्याची पिराय 18 वर्सां परस चड आसपाक जायना.
म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/630

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.